# खेळां शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज मागयल्यात

4 मार्च 2024

खेळा आनी युवा वेव्हार संचालनालयान खेळां शिश्यवृत्ती खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयल्यात. चंपा देविंदर धिंग्रा स्पोर्ट्स ट्रस्टा वतीन खेळां शिश्यवृत्ती दितात आनी ती गोंयच्या युवा पात्र खेळगड्यांक दितले. 2024-25 वर्सा खातीर वट्ट 25 शिश्यवृत्ती दितले.

पात्र उमेदवारां कडेन राज्य पांवड्या वयले गुणवत्ता प्रमाणपत्र आसपाक जाय आनी 2023-24 वर्सा राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्या वयल्या सर्तींत प्रतिनिधित्व केल्ले आसपाक जाय. 6 वी ते 12 वी मेरेन शिकपी उमेदवार शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करपाक शकतात.

अर्ज डावनलोड करपा खातीर खात्याच्या www.dsya.goa.gov.in ह्या वेबसाटीचेर भेट दिवची. पुराय भरिल्ले अर्ज 20 मार्च 2024 मेरेन dir-spor.goa@nic.in ह्या ईमेलावरवीं सुपुर्द करपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/151

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.